गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी',1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक . 12 ,वर्स 2025**

**12.12. 2025 दिसा प्रकाशीत केल्या**

सकयल दिल्ल्यां पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**सगळ्या पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 26.12. 2025 आसा.**

ऑनलायन अर्ज करपा खातीर आयोगाचें संकेतथळ https://gpsc.goa.in वा गोंय सरकाराचें पोर्टल https://cbes.goa.gov.in. चेर पळोवचें.

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारशीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमूद केल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

**टीप:1)** अर्ज योग्य रितीन भरल्या उपरांत, उमेदवारांनी सकयल दिल्ल्या प्रमाणें, अर्ज शुल्क भरचें पडटलें.

**ए) ऑनलायन**

- ऑनलायन फारीकणी करची.
- यशस्वी स्थिती दाखोवपी ई- पावती डावनलोड करची.

बी) ऑफलायन

- ई- चलन निर्माण करचें.
- गोंयांत आशिल्ल्या खंयच्याय एसबीआय फांट्यांत फकत निमाणे तारखेक वा ताचें आदीं रोख फारीकणी करची (ई- चलनाची वैधताय ई-चलन निर्माण जाल्या उपरांत सात दीस मेरेन आसतली)
- ह्या ई- चलनाचेर बँकेचो शिक्को गरजेचो आसा.
- अर्ज सादर करपाचे निमाणे तारखेक वा ताचे आदीं आयोगाच्या कार्यालयांत शिक्को मारिल्लें ई- चलन सादर करूंक जाय.

2) फारीकणी यशस्वी जाल्या उपरांतूच उमेदवारांक आपलो अर्ज डावनलोड करूंक मेळटलो.

3) निमाणे तारखे उपरांत शुल्क फारीक केल्लो अर्ज रोखडोच न्हयकारतले आनी हे फारीकणीचो परतावो जावचो ना.

4) अर्जांत उमेदवाराचो ईमेल नामो आनी मोबायल क्रमांक चुकयनासतना दिवंक जाय. आयोग उमेदवारांच्या अर्ज संबंदीत सगळे संपर्क ईमेल पत्त्याचेर/मोबायल क्रमांकांतल्यान धाडटलो. सगळया उमेदवारांक तांच्या अर्जा संबंदीत अद्यावत/ कळोवणी खातीर तांचे ईमेल/खातें/ मोबायल फोन/आयोगाची वॅबसायट नेमान तपासपाचो सल्लो दितात.

**टीप: जायरातीचे अणकारींत आवृत्तींत कसल्योय विसंगती दिसल्यार इंग्लीश आवृत्ती हीच प्रामाणीत अशें मानतलें.**

## I. <u>विज्ञान आनी तंत्रज्ञान आनी कोयर वेवस्थापन खातें</u>

**सहाय्यक संचालक (Assistant Director)** ..... 1 पद (दिव्यांगा खातीर आरक्षीत – भेड्डो आनी आयकुपाची विकलांगताय)

**वेतन श्रेणी:** टप्पो 10 **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक :** (1) (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापीठ /संस्थेंतल्यान नागरी / यांत्रिकी अभियांत्रिकेंत पदवी वा तत्सम आसूंक जाय. ii) संबंदीत क्षेत्रांत पांच वर्सांचो अणभव.

वा

(1) (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापीठ /संस्थेतल्यान नागरी / यांत्रिकी अभियांत्रिकेंत पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम आसूंक जाय. ii) संबंदीत क्षेत्रांत तीन वर्सांचो अणभव.

(2) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :– (1) मान्यताय प्राप्त विद्यापीठ /संस्थेंतल्यान नागरी / यांत्रिकी अभियांत्रिकेंत डॉक्टरेट वा तत्सम आसूंक जाय. (2) कोयर वेवस्थापनांत अणभव (3) जॉग्राफिकल इन्फॉरमेशन सिस्टम (GIS) / रिमोट सॅनसिंगाचें गिन्यान आसूंक जाय. (4) मराठीचें गिन्यान.

## II. <u>तंत्रीक शिक्षण संचालनालय</u>

सरकारी तंत्रनिकेतन महाविद्यालय ( Government Polytechnic College)

अभियांत्रिकी/तंत्रगिन्यानांत व्याख्यातो (इन्स्ट्रूमेण्टेशन **ॲ**ण्ड कण्ट्रोल) (Lecturer in Engineering /Technology (Instrumentation & Control) ..... 1 अनारक्षीत पद

**वेतन श्रेणी:** मॅट्रिक्स टप्पो 9A प्रमाणें ) **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यक** – (1) i) अभियांत्रिकी /तंत्रगिन्यानाच्या संबंदीत फांट्यांत पयले श्रेणींत पदव्युत्तर पदवी वा अभियांत्रिकी /तंत्रगिन्यानाच्या संबंदीत फांट्यांत पयले श्रेणींत पदवीधर पदवी.

**टीप:** वयर दिल्ल्या उद्देशा खातीर "योग्य फांटो" म्हणजेर ज्या फाट्यांत पद भरपाचें आसा तो फांटो वा जंय आसपावीत आशिल्ल्या विशयाची समानता दाखोवं येता अशे हेर फांटे.

(2) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक** :– मराठीचें गिन्यान.